# Aakashwani Panaji National news 8.40 am 11 February 2025

भारत-फ्रांसाचे अर्थीक आनी वेपारी संबंद वाडोवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं पॅरिसांत पावले. फाल्यां प्रधानमंत्री एआय ऍक्शन शीमेचे सह-अध्यक्षपण करतले. द्विपक्षीय वेपार 13 अमेररकी अब्ज डॉलर परस चड जाल्ल्यान आनी संरक्षण, मुळावी बांदावळ, डिजिटल तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या मुखेल क्षेत्रांनी वाडत वचपी गुंतवणूक आशिल्ल्यान ही भेट, रणनिती भागीदारी घटमूट करपाचेर भर दितली.भारत आनी फ्रांस हांचेमदीं गतीशील अर्थीक संबंद आसा, वेपार, गुंतवणूक आनी उद्देगीक भागीदारी हांचो म्हत्वाचो वांटो आसा. भारतांत ७०० वयर फ्रेंच कंपनींचें काम करतात, जाका लागून अर्थीक वाड आनी नोकऱ्यो निर्माण जातात, जाल्यार भारतीय कंपनीं फ्रांसांत खास करून आयटी आनी उत्पादन मळार आपली उपस्थिती वाडयतात. कृत्रिम बुध्दी आनी डिजिटल तंत्रगिन्यान अर्थीक सहकार्यांत नव्यो शिमो म्हणून उदेत आसात.पारंपारीक क्षेत्रां भायर दोनूय देशां मदले अर्थीक संबंद वाडत आसात अशें फ्रांस-इंडियाचे अध्यक्ष कौमार आनंद सांगतात.भारत आनी फ्रांस आपल्या घटमूट अर्थीक बुन्यादीचेर त्रिगुण रावल्यात. ही भेट तांचे वेपारी संबंद खोलायेन वाडोवपाक आनी उदयाक येवपी तंत्रगिन्यानांत संवसारीक सहकार्य वाडोवपाक म्हत्वाचें पावल थारता.

---

आयज युनानी दिस. हे निमतान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतल्यो. ह्या वेळार विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाजीर आसतले. नामनेचे युनानी वैज, शिक्षणतज्ञ, आनी सुटकेझुजारी हाकिम अजमल खान हाच्या जल्मदीसाचो भोवमान करपा खातीर दर वर्सा 11 फेब्रुवारी हो दीस युनानी दीस म्हणून मनयतात. आयुष मंत्रालया खाला सेंट्रल काउन्सिल फॉर रिसर्च इन युनानी मेडिसीन "इनोव्हेशन्स इन युनानी मेडिसिन फॉर इंटिग्रेटिव्ह हेल्थ सोल्युशन्स - अ वे फॉरवर्ड" ह्या विशयाचेर दोन दिसांची आंतरराष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडटा. जागतीक भलायकी आनी बरेपणाक चालना दिवपाक युनानी मेडिसीनाची म्हत्वाची भुमिका उजवाडावपाच्या हेतान ही परिशद संवाद, सहकार आनी गिन्यानाच्या आदान-प्रदानाची मंच म्हूण काम करतली.

---

भारत उर्जा सप्तक 2025 आयच्चान नवी दिल्लींत सुरू जातले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी चार दिसांच्या ह्या मेगा कार्यावळीचें विडियो परिशदेवरवी उक्तावण करतले अशे काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें,. मंत्री आनी सीईओ सहभाग, प्रदर्शनाची सुवात आनी सत्रांची संख्या हांचे नदरेन ही कार्यावळ संवसारभरांतली दुसरी व्हडली उर्जा कार्यावळ आसतली अशें तांणी सांगलें. देशांतल्या प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणेचें यश संवसारीक पांवड्यार आदर्श म्हूण सादर

करतले अशें श्री पुरी हांणी सांगलें. तशेंच कॅनडा, जर्मनी, जपान, ब्रिटन आनी अमेरिकेवांगडाच हेर धा देश ह्या कार्यावळींत आपले मंडप उबारतले अशी म्हायती मंत्री पुरी हांणी दिली.

---

केंद्रीय मंत्री Dr जितेंद्र सिंग हाणी आयज AIIMS नवी दिल्लींत भारताची पयली देशी ऑटोमेटेड बायोमेडिकल वेस्ट ट्रीटमेंट रिग, सृजनमची सुरवात केली.तिरुवनंतपुरमांतल्या सीएसआयआर एनआयआयएसटीन तयार केल्ली ही देशांतली पयली रिग .ह्या संदर्भार उलयतना मंत्रीमंडळान कोयरांतल्यान गिरेस्तकायेंत प्रतिमानांत बदल करपाचो उलो मारलो आनीशाश्वतपण आनी पर्यावरणाच्या हुस्क्याचेर भर दिलो. जितेंद्र सिंग हाणी भारताच्या अर्थीक रुपांतराचेर भर दिलो आनी देश 'नाजूक पांच' चो भाग जावन 'पयल्या पांच' चो वांगडी जाला आनी वाड चालू दवरपाच्या वाटेर आसा अशें सांगळे . तशेंच भलायकी जतनाय सुविधांनी कोयर वेवस्थापनांत क्रांती घडोवन हाडपी नव्या जैव वैजकी कोयर उपचार रिगाचें म्हत्व तांणी उक्तायलें.सृजनम रिग म्हत्वाच्या आनी उर्जा-प्रधान जळोवपी उपकरणांचेर आदारून रावनासतना रोगजंतू निर्माण करपी जैव वैजकी जंतूनाशक करपाखातीर खासा तयार केल्ली आसा. दर दिसा 400 किलो क्षमताय आशिल्ली ही उपकरण सुरवातीच्या पांवड्यार दिसाक 10 किलो विघटनशील वैजकी कोयर हाताळपाक सक्षम आसा.

---

बुधवारा प्रयागराजल्या महाकुंभांत जावपी माघी पूर्णिमा न्हाणाच्या आदीं यात्रेकरु आनी पर्यटकांची खाशेली वेवस्था करपा खातीर भारतीय रेल्वे झुजापांवड्यार वावुरता. रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी हाचे आदीं प्रयागराज रेल्वे स्टेशनाचेर हे वेवस्थेची पळोवणी केल्ली. निरिक्षण करतना मंत्री वैष्णव हाणी सध्याच्या गर्दीच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी रेल्वेचे तयारे विशीं वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा केली. महाकुंभ खातीर शारांतल्या आठ रेल्वे स्टेशनांचेर सरकारान विस्तारान वेवस्था केल्ल्याचे दिल्लींत खबराकारांकडेन उलयतना मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें

---

दिल्लींत 'परीक्षा पे चर्चा' या कार्यावळीत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी विद्यार्थी, पालक आनी शिक्षकांकडेन सवाद साधलो. ह्या भागात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शिक्षणाचें म्हत्व उक्तें करून शिक्षण सर्वांगीण उदरगती खातीर आसा शिक्षणाचे महत्त्व अधोरेखित केले. आयज प्रसिद्ध केल्ल्या व्हिडियोंत प्रधानमंत्र्यानी परिक्षेच्या वेळार ताण आनी चिंता कशी पयस करची हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें परिक्षा हेच सर्वस्व अशें कल्पनेन जगूंक फावना अशें मोदींनी नमूद केले. विद्यार्थी रोबॉट न्हय अशें म्हणत प्रधानमंत्र्यानी सांगलें की जर, विद्यार्थी पुस्तकांत अडकले जाल्यार ते वाडूंक शकनात. परिक्षेंत बरे कामगिरी करपा खातीर विद्यार्थ्यांनी आपल्या आवडीच्या कामांनी वांटो घेवचो असो उल्लेख तांणी केला. प्रधानमंत्र्यानी विद्यार्थ्यांक बरोवपाची संवय लावपाचो सल्लो दिलो. कमी गुणांक लागून घरांत तणावपूर्ण वातावरण निर्माण जाता, हो दबाव कसो पयस करचो हाचेर टिप्स दिल्यो. ह्या दबावाक लागून ताण येनासतना तयारी करची आनी स्वताक आव्हान दित रावपाचो सल्लो तांणी दिलो. ही

कार्यावळ आकाशवाणी, दूरदर्शन, स्वयं प्रभा, पीएमओ यूट्यूब चॅनेल आणि शिक्षण आणि माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या सोशल मीडिया चॅनेलवर थेट प्रसारीत जाता. हे आवृत्तींत सगळ्या राज्यांतल्यान आनी केंद्रशासित प्रदेशांल्यान सुमार छत्तीस विद्यार्थ्यांक प्रधानमंत्र्या कडेन थेट संवाद सादपा खातीर वेंचून काडील्ले.

---

हालींच लेबाननांत नवे सरकार तयार जाले उपरांत इराकी प्रधानमंत्री मोहम्मद शिया अल सुदानी हांणी लेबनानाक फाटबळ चालू दवरपाचें उतर दिलां. इराकान लेबनाना कडेन टिकपी एकचार आनी शक्य तितली मजत दिवपाची वचनबद्धताय हांचेर अल सुदानीन भर दिलो. नवे सरकार घडपा खातीर अल-सुदानीन लेबनानाचे अध्यक्ष आनी प्रधानमंत्री हांकां दोन परबीं पत्रां धाडलीं. ह्या पावलाक लागून लेबनानी लोकांचे हावेस पुराय करपाक स्थिरताय आनी सुरक्षेच्या नव्या युगाची सुरवात जातली अशी आस्त तांणी उक्तायली.लेबनानान प्रधानमंत्री नवाफ सलाम हांच्या फुडारपणा खाला नवे सरकार तयार केलां आनी 2022 उपरांत देशांतलें पयलें पुराय प्रशासन जालां.शेनवारा जाहीर केल्ल्या 24 वांगड्याच्या मंत्रीमंडळाचो हेतू, अर्थीक सुदारणां चालीक लावप, पुनर्बांदणीच्या यत्नांचेर देखरेख दवरप आनी इझ्राएल कडेन आशिल्ली लेबनानाची शिमो स्थीर करपाचो थाराव चालीक लावपाचो आसा.

---

महाराष्ट्राचे पर्यावरण मंत्री पंकजा मुंडे हांणी , प्रदुशीत उदकाचो परत वापर करपाक प्रोत्साहन दितनाच न्हंय आनी तळयांच्या सांडपाणीचें दूषितपण आडावपा खातीर राज्यांतल्या पर्यावरण खातें एक व्यापक येवजण तयार करतले अशें जाहीर केलां. ह्या उपक्रमाचो भाग म्हणून नगरपालिका आनी महानगरांतल्या प्रदुशण नियंत्रणा खातीर अभिनव तंत्रज्ञान चालीक लावपा खातीर तंत्रीक कक्ष स्थापन करतले.पर्यावरण आनी हवामान बदल खातें, महाराष्ट्र प्रदुशण नियंत्रण मंडळ,एमपीसीबी, आनी आयआयटी पोवाई हांणी मुंबयंत संयुक्तपणान आयोजीत केल्ल्या 'नगरपालिका सांड उदक वेवस्थापन अंतर, शाश्वतपण , आनी फुडें वचपाचो मार्ग' ह्या विशयाचेर एक दीस चलपी परिशदेंत मंत्री मुंडे हांणी ह्यो उलोवणी केल्यो. ह्या कार्यावळींत पालिका म्हामंडळां आनी थळाव्या शासन करपी संस्थां खातीर शाश्वत सांडपाणी वेवस्थापन पद्दतीचेर भर दिल्लो.ह्या कार्यावळींत उलयतना मंत्री मुंडे हांणी गांव पंचायती, नगरपालिका म्हामंडळां, आनी महानगरांतल्यान न्हंयांनी भितर सरपी व्हड प्रमाणांत उपचार नाशिल्ल्या सांडपाणीक लागून पर्यावरण आनी भलायकेचेर जावपी धोक्यांचेर भर दिलो. हाचेर उपाय काडपा खातीर, पर्यावरण खातें, न्हंय आनी तळीं संवर्धन करपा खातीर रणनिती आनी तंत्रीक येवजण तयार करतलें अशे सांगलें .

---